Panaji

प्रादेशिक खबरो

१६.०७.२०२५ @ ७.२०

- गोंय विधानसभेचें पावसाळी अधिवेशन २१ जुलय ते ८ ऑगस्ट ह्या काळांत जातलें.
- गोंयचे पुरातत्व दस्तावेज सुगूर उरचे ह्याखातीर सगल्या दस्तांवेजाचो डिजिटलायझेशन करुन ते सांबाळून दवरतले अशी म्हायती पुरातत्व खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी दिल्या
- गोंय कर्मचारी भरती आयोगा मार्फत भरती जावपी पुलीस उपनिरिक्षकांच्या 187 पदां खातीर 10 ऑगस्टाक पयली सीबीटी परीक्षा जातली.
- गोंयच्या नाट्य अकादमीन रविंद्र भवन बायणा वास्को हांच्या जोड पालवान  नाट्य अकादमी सर्तीचो निकाल जाहीर जाला

पावसाळी अधिवेशनात येवपी प्रस्न आनी विधेयकांविशी आमदार तशेच मंत्र्यांक मार्गदर्शन करपा खातीर पावसाळी अधिवेशनाच्या फाटभुंयेर पणजेच्या एका हॉटेलांत मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणा खाला भाजपा आनी युती आमदारांची बसका जाली. गोंय विधानसभेचें पावसाळी अधिवेशन २१ जुलय ते ८ ऑगस्ट ह्या काळांत जातलें.

बसकेक सरकाराक फाटबळ दिवपी आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये आनी आंतोन वाझ हजर आशिल्ले. मगोचे फुडारी आनी वीजमंत्री सुदिन ढवळीकार हे गोंयां भायर आशिल्ल्यान बसकेक हजर रावपाक शकले नात..कायदोमंत्री अलेक्स सिक्वेरा बसकेक हजर नाशिल्ले. तांची प्रकृती सुधारिल्ल्यान अधिवेशना खातीर सभाघरांत ते निश्चीतपणान हजर आसतले, अशें दामू नायक हांणी म्हणलें.

राज्यपालांच्या अभिभाशणाचेर ह्यान पयलींच चर्चा जाल्ल्यान फाटल्या वर्सा परस ३ दीस उणे केल्यात अशें दामू नायक हांणी म्हणलें

कुंकळ्ळीच्या लोकांनी १५८३ ह्या वर्सां पुर्तुगेज सत्तेविरोधात दिल्लो लढो हो आशियातले पयले बंड आशिल्ल्यान कुंकळ्ळीच्या इतिहासात संवसारीक पावंड्यार मान्यताय मेळपाची गरज गोंयचे पुरातत्व खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी उक्तायली. कुंकळ्ळीच्या चिफटन्स मेमोरियल थळाचेर कुंकळ्ळीच्या १६ महानायकांनी केल्ल्या पराक्रमांचो ४२२ वो स्मृतिदिस मनोवपाच्या कार्यावळीत फळदेसाय हे  मुखेल सोयरे अशील्ले .

ह्यावेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार, कुंकळ्ळीचे नगराध्यक्ष लँड्री मास्कारेन्हस, दक्षिण गोंयच्यो जिल्हाधिकारी **ॲ**ग्ना क्लिटस, पुलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा, गोंय सुटके झुजारी संघटनेचे अध्यक्ष रोहिदास देसाय तशेच

कुंकळ्ळी चिफटन्स मेमोरियल प्रतिश्ठानाचे अध्यक्ष ऑस्कर मार्टिन्स हे हाजीर आशिल्ले. राज्य पावंड्यार मनयिल्ल्या ह्या सुवाळ्यात ह्या महानायकांक पुलीस दलाकडल्यान सलामी दिली. ह्यावेळार उलयताना फळदेसाय हांणी, गोंयच्या भुरग्याक गोयच्या सुटके झुजाची आनी हेर लढ्यांची म्हायती मेळची ह्याखातीर गोंय सरकारावतीन एक ॲनिमेशन सिरिज सुरु करतले आनी तातूंत कुंकळ्ळीच्या ह्या लढ्याचोय आस्पाव आसतलो अशें तांणी सांगलें. गोंयचे पुरातत्व दस्तावेज सुगूर उरचे ह्याखातीर सगल्या दस्तांवेजाचो डिजिटलायझेशन करुन ते सांबाळून दवरतले अशी म्हायती तांणी दिली.विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी ह्यावेळार उलयताना, कुंकळ्ळीचे महानायक स्मारक देड कोटी रुपया खर्चून सुशोभित करपाचे आसून ह्या थळाचेर १६य महानायकांचे पुतळे येत्या वर्सभरात उबे जातले अानी हे पुतळे सगल्या कुंकळकारांक उर्बा दितले अशें सांगलें. ह्यावेळार संदीप देसाय आनी डायगो कुतिन्हो हांकां कुंकळ्ळी श्री हो पुरस्कार दिवन जाल्यार तरनाटे फुटबॉल खेळगडे किगन आल्मेदा हांकां कुंकळ्ळी ज्योती हो पुरस्कार भेटयलो. कुंकळ्ळी मित्र पुरस्कार मोहन नायक हांकां फावो केलो.

गोंय कर्मचारी भरती आयोगा मार्फत भरती जावपी पुलीस उपनिरिक्षकांच्या 187 पदां खातीर 10 ऑगस्टाक पयली सीबीटी परीक्षा जातली. गोंय कर्मचारी भरती आयोगान परीक्षेची नोटीस जारी केल्या.
अंदूं म्हणल्यार 2025 वर्सा खातीर सहाय्यक शिक्षक, पीएसआय, तंत्रीक सहाय्यक, ग्रंथपाल मेळून 398 पदां भरपा खातीरची जायरात आयोगान मे म्हयन्यांत जारी केली. सगळया पदां खातीर मेळून सुमार 8500 अर्ज आयल्या. सगळया पदां खातीर अर्ज करपाची पयली 23 मे ही निमाणी तारीख आशिल्ली. पीएसआय पदां खातीर अर्ज करपाची तारीख 30 मे मेरेन वाडयली. सहाय्यक शिक्षकांच्या 118 पदां खातीर अर्ज करपाची मुजत वाडोवन ती 15 जुलय केली.

कला आनी संस्कृती संचालनालयान 19 ते 21 जुलय मेरेन कला दालन, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा “मान्सून एक्सप्रेशन” ह्या विशयाचेर गोंयच्या कलाकारांच्या चित्रांचे एक विशेश प्रदर्शन आयोजीत केला.प्रदर्शनात सहभागी जावपी कलाकारांनी फ्रेम केल्ली आपली 2x5 फुटाची एक कलाकृती/चित्र 17 जुलय मेरेन संस्कृती भवनात हाडून दिवपाक जाय.प्रवेश अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालयात उपलब्ध आसात. अदीक म्हायती खातीर 2404630/600 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो.

गोंयच्या नाट्य अकादमीन रविंद्र भवन बायणा वास्को हांच्या जोड पालवान नाट्य अकादमी सर्त घाडोवण हाडली. गोंयच्या वेगवेगळ्या शाळांनी हे सर्तींत वांटो घेतलो आनी पारंपारीक गोंयकार कलाप्रकार नाट्यप्रकारांत आपली प्रतिभा दाखयली. हातूंत बांबोलीच्या कुजीरा हायस्कुलान सादर केल्ल्या 'कालीज रडता' ह्या तियात्रक पयलें इनाम मेळ्ळें.अवर लेडी ऑफ द रोझरी हायस्कुल, दोना पावला हांणी सादर केल्लें 'आय क्यू न्हय, ईक्यू ज़ाय ' आनी अवर लेडी ऑफ कार्मेल हायस्कुलान सादर केल्लें 'वेल' तियात्रक अनुक्रमान दुसरें आनी तिसरें स्थान मेळयलें. उत्कृष्ट कलाकारांखातीर चल्यामदीं पयले इनाम आन्सेलो मास्कारेन्हस जाल्यार दुसरे इनाम मायकॉन परेरा हांकां जाल्यार चलयांमदी पयले इनाम एंजेल फर्नांडिस जाल्यार दुसरे इनाम लानिसा मास्कारेन्हस हिका फावो जाला.
उत्कृष्ट लेखनाचे पयले इनाम 'काळीज रडटा' खातीर ऑस्टीन रॉड्रीगीस जाल्यार दुसरे इनाम 'आयक्यू न्हूय, इक्यू जाय' ह्या तियात्राच्यो बरोबपी आंतोनेत डिसोझा हांकां फावो जाला.
स्पर्धेक फादर लुवीस गोम्स, फादर मिल्टन रॉड्रिगीस आनी पीटर वाज हांणी परीक्षण केले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सांवत हाच्या हस्तुकी पशुसंवर्धन व पशु चिकीत्सा सेवा मंत्री निळकंठ हळर्णकर, सावर्डेचे आमदार गणेश गांवकर आणि हेरांच्या उपस्थितीत मोले धारबांदोडा हांगा १८ जुलैक सकाळी ११.०० क पशुसंवर्धन खात्याच्या दवाखान्याचे उक्तावण जातले

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० प्रमाण इकरावी आनी बारावी वर्गांतल्या सगल्या विद्यार्थ्यांक करिअर मार्गदर्शन दिवपाकूच जाय अशें सुचयलां. ह्या मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवंक गोंय राज्य शिक्षण, प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्कृत तिसवाडी तालुक्यांतल्या शाळां खातीर करिअर मार्गदर्शन कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. ही करिअर मार्गदर्शन कार्यावळ 18 आनी 19 जुलयाक कलाकादमीच्या मुखेल सभाघरांत जातली. गोंय राज्य शिक्षण, प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्था आनी प्रो एड्यूटेक एलएलपी हांणी संयुक्तपणान ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या. बारावीच्या वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर ही कार्यशाळा सक्तीची आसतली अशी म्हायती SCERTन दिल्या. विज्ञान वेवसायीक आनी कला, फाट्यांच्या विद्यार्थ्यां खातीर शुक्रारा 18 जुलयाक, वाणिज्य फाट्यांच्या विद्यार्थ्यां खातीर शेनवारा 19 जुलयाक करिअर मार्गदर्शन दितले अशें गोंय शिक्षण, प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेचे संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी सांगलें.

भारतीय विशिष्ट ओळख प्राधिकरण (UIDAI) न पालकांक ७ वर्सा आणि ताचेवेल्या भुरग्यां खातीर अनिवार्य बायोमेट्रिक अपडेट पूराय करपाचे आवाहन केला. इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयान म्हणला की सध्याच्या मार्गदर्शक तत्त्वां प्रमाण, पाच वर्सा परस कमी वयाच्या भूरग्याक विकासात्मक कारणांक लागुन बोटांचे ठशे वा बुबुळ स्कॅन दिवपाची आवश्यकता ना.तातुंत अशेय म्हणला की एकदा भुरगे पाच वर्षांचे झाले की, हे बायोमेट्रिक्स अपडेट करप गरजेचे आसा आणि ५ ते ७ वयोगटात पूराय केल्यार ही प्रक्रिया फुकट आसा. सद्य नियमांप्रमाण, जर ७ वर्षांच्या वया उपरांतय अनिवार्य बायोमेट्रिक अपडेट पूराय जाले ना, तर आधार क्रमांक निष्क्रिय करपाक शकता. अनिवार्य बायोमेट्रिक अपडेट प्रक्रिया पूराय करपाक UIDAI न अशा भुरग्यांच्या आधारात नोंदणीकृत मोबाइल नंबरचेर एसएमएस संदेश धाडपाक सुरुवात केल्या

राष्ट्रीय नमुना सर्वेक्षणाच्या पंचातराव्या वर्साचे निमित्यान, भारत सरकारच्या सांख्यिकी आणि कार्यक्रम अंमलबजावणी मंत्रालयाच्या अंतर्गत राष्ट्रीय सांख्यिकी कार्यालयान अन्वेषा २.० या नावान एक प्रश्नमंजुषा सर्त आयोजित केल्या. ही कार्यवळ १८ जुलैक गोयातल्या महाविद्यालयीन आणि विद्यापीठीय विद्यार्थ्यां खातीर आयोजित केल्या. इच्छुक महाविद्यालयां त्यांच्या प्राचार्यांमार्फत ro.pnj-fod@nic.in या ईमेलवरवी संपर्क साधू शकतात.

आज भारतात कृत्रिम बुद्धिमत्ता (एआय) कौतुक दिस मनयनात. हो दिस जागतिक एआय लँडस्केपात देशांच्या वाढत्या भूमिकेचो उत्सव आसा बेंगळुरू आणि हैदराबाद सारख्या तंत्रज्ञान केंद्रांपासून ते ग्रामीण भागां मेरेन, एआय देशातली भलायकीसेवा, शिक्षण, शेती, प्रशासन आणि उद्योगात परिवर्तन घडयता. एआय मदली भारताची प्रगती ही वर्षानवर्सा नियोजन आणि तेक्याचो परिणाम आसा.सरकारच्या एआय फॉर ऑल व्हिजन आणि एआय खातीर राष्ट्रीय रणनीतीचो उद्देश एआयचो वापर फक्त आर्थिक वाढीखातीरय न्हय तर जीवन सुधारपाक, समावेश सुनिश्चित करपाक आणि समानतेक प्रोत्साहन दिवपाक लेगीत आसा. भारताचो एआय प्रवास १९६० च्या दशकात सुरुवातीच्या संगणक विज्ञान संशोधनान सुरू जालो. १९८६ त ज्ञान-आधारित संगणक प्रणाली प्रकल्पान एक व्हड पाऊल उखलले. १९९० च्या दशकात, सी-डॅक सारख्या संस्थांनी सुपरकॉम्प्युटिंग आणि सुरुवातीच्या एआय कामात प्रगती केली. २००० च्या दशका मेरेन टीसीएस, इन्फोसिस आणि विप्रो सारख्या आयटी कंपन्यांनी एआयत गुंतवणूक करपाक सुरुवात केली, तर विद्यापीठांनी एक मजबूत प्रतिभा पूल तयार केलो.

श्रीलंकेत जावपी अंतरराष्ट्रीय डॉक्टर्स क्रिकेट लिगात गोयच्या दोतोरांचो द गोवन ग्लेडीयटरस पगड वाटेकार जातलो. गोवा सुपर बोडीज पोवर लिफ्टिंग असोसिएशन हांचे वतीन राज्य पावडयावेल्या सरतीत शमिता सांतीनेजकर भांगरा पदक मेलोवपा सयत बलवान बायल ठरली

पणजी वेधशाळेन राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी घोग्यांनी  पावस पडू येता तशेच वारे वराक ४0 ते ५0 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग ६0 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला